# राज्यात छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती व्हडा उमेदीन आनी उत्साहान मनयली

# फर्मागुडी वयल्या किल्ल्याच्या पुर्नबांदकामाक वर्सभरात सुरवात करपाची मुख्यमंत्र्यांची घोशणा

ता. 19 फेब्रुवारी 2020

राज्यात आयज सगळी कडेन छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती उत्सव व्हडा उमेदीन आनी उत्साहान मनयलो. राज्य पातळीवयलो छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो फर्मागुडी-फोंडा हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जालो. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान ग्रामपंचायत, बांदोडा आनी जिल्हा पंचायत वांगडी, कवळे हांच्या सहकार्यान ह्या सुवाळ्याचे आयोजन केल्ले. ढोल, ताशें आनी लेझीमेचो गजर, पोवाडे आनी शिवाजी महाराजांच्या जयघोशान फर्मागुडीचो सगळो परिसर घुमघमलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार आनी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री श्री. रवी नाईक, म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. संजय कुमार, पुणेंचे इतिहासकार डॉ. पद्माकर गोरे आनी हेर मानेस्तांनी छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या अश्वारूढ पुतळ्याक फुलांहार घालून महाराजांच्या उगडासाक आगीं ओपली.

उपरांत श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जाल्ल्या कार्यक्रमात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी छत्रपती शिवाजी महाराजान रयतेच्या कल्याणाखातीर स्थापन केल्ल्या स्वराज्या प्रमाण राज्याचो कारभार चलोवपा खातीर छत्रपती शिवाजी महाराजांचे विचार आनी आदर्शांक पाळो दिवपाची गरज उकतायली.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान फर्मागुडी वयल्या किल्ल्याचे पुर्नबांदकाम आनी विस्तार करपाची सरकाराची येवजण आसून वर्सभराच्या काळात ह्या कामाक सुरवात जातली अशी घोशणा केली आनी छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या इतिहासाची माहिती ह्या किल्ल्याचेर युवा पिळगेखातीर उपलब्ध करतले, अशें सागले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी जीणेत यशस्वी जावपाखातीर नियोजन आनी कौशल्य महत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून दीर्घ काळाचे नियोजन आनी कौशल्ल्याक लागून छत्रपती शिवाजी महाराज आपले डावपेच साध्य करपाक शकले, अशें सांगले. छत्रपती शिवाजी महाराजी आदर्श जीण आनी कार्य जाणून घेवपाखातीर विद्यार्थ्यांनी शिवचरीत्राचे वाचन करपाची गरजय तांणी ह्या वेळार उकतायली.

पुणेंचे इतिहासकार डॉ. पद्माकर गोरे हांचे छत्रपती शिवाजी महाराजांची जीण आनी कार्याचेर भाशण केले.

सुरवातीक म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्यो संचालीका श्रीमती मेघना शेटगांवकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

निमणे श्री. श्याम गांवकर हांणी उपकार मानले. श्री. गिरीष वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/153

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA